Date :06/02/2026 प्रादेशिक  खबरो 7.20 pm

नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवी सविता बर्वे तुमका  प्रादेशिक खबरो दिता .

मुखेल खबरो

फोंडा मतदारसंघांतले जायते प्रलंबीत उदरगत प्रकल्प नेटान पुराय करपाचो सरकार यत्न करता अशें मुख्यमंत्रांनी सांगलें.

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी परीक्षा पे चर्चा हो एक प्रेरणादायक आनी अंतर्दृष्टी आशिल्लो संवाद आशिल्लो अशें म्हणला .

विद्यार्थ्यांनी आपलें गिन्यान समाज आनी देशाच्या बरया खातीर वापरचें अशे अनिल काकोडकार हाणी एनआयटीच्या दीक्षांत सुवाळ्यांत सांगले

तुमची मानसिकताय हीच तुमची खरी शक्त. तुमच्या मानसिकतायचेर  विस्वास दवरात अशे मत  कॅप्टन शुभांशु शुक्ला हांणी उक्यातला

आता पुराय खबरो

प्रसाद  २५०

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आयज फोंडाच्या राजीव गांधी कला मंदिरांत "सरकार तुमच्या  दारी" कार्यावळ चालिक लायली . ह्यावेळार वीज मंत्री सुदीन ढवळीकर, सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकर, प्रियोळ मतदारसंघांतले आमदार गोविंद गावडे, दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी एगना क्लेटस आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें की, देशांतलें भाजपा सरकार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला वेगवेगळ्यो कल्याणकारी येवजण्यो चालीक लायता, तेच प्रमाण गोंयांतलें भाजपा सरकार एक दूरदृश्टीकोन घेवन वावुरता. फोंडा तालुक्या आनी फोंडा मतदारसंघांतले जायते प्रलंबीत उदरगत प्रकल्प नेटान पुराय करपाचो सरकार यत्न करता अशें तांणी सांगलें.

फोंडा तालुक्याच्या सुमार 12 लाभार्थ्यांक म्हजे घर येवजणेचीं मंजुरीपत्रां मुख्यमंत्रांनी भेतयली .

ह्या वेळार उलयतना वीज मंत्री सुधीन ढवलीकार हांणी सांगलें, सरकार तुमच्या दारांत ही एक बरी संकल्पना जावन आसा आनी लोकांची वेगवेगळी प्रलंबीत समस्या आनी सरकाराच्या दरबारातले लोकांचें काम नेटान पुराय जातलें. अंदूं सरकारान फोंडा तालुक्यांतल्यान सरकार तुमच्या दारांत ही येवजण चालीक लायल्या आनी ते खातीर तांणी मुख्यमंत्र्याचे उपकार मानले. ह्या वेळार सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हाणी सांगले कि .

जाण १२०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळीं 'परीक्षा पे चर्चा' कार्यावालीत देशातल्या विद्याथ्यां वांगडा संवाद सादलो . हयावेलार ताणी परिक्षेच्या ताणतणावक कशें तोंड दिवचें हाचेर विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलें. मजगती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज फोणेंच्या सेंट मेरी हायस्कुल विद्याथ्यां वांगडा परीक्षा पे चर्चा कार्यावळींत वांटो घेतलो. हो एक प्रेरणादायक आनी अंतर्दृष्टी आशिल्लो संवाद आशिल्लो अशें तांणी म्हणला. प्रधानमंत्र्यानी आपल्या संवादात विद्यार्थ्यांक परिक्षेक आत्मविस्वासान फुडो करा , नव्या तंत्रगिन्यानाकडेन मेळोवन घेवप , पाठ्यपुस्तकां भायर मोलादीक जिणेचे धडे शिकप हांचेर मार्गदर्शन केलें. ताच्या संवादांतल्यान ताण मुक्त मानसिकताय, शिकपाची जिज्ञासा आनी जिणे विशीं सकारात्मक नदर हांकां प्रोत्साहन मेळ्ळें. हो अर्थपूर्ण कार्यक्रम विद्यार्थ्यांक नव्यान उमेदीन अभ्यास करपाक प्रेरीत करतलो आनी परिक्षा आनी जिणेंतल्या आव्हानांक आशावाद आनी आत्मविस्वासान तोंड दिवपाक तयार करतलो असो विस्वास ताणी उक्तायलो.

SUSHANT

१90 सद्याचो युग म्हळ्यार गिन्यानाचो काळ आनी फुडाराचे निर्णय गिन्यान आनी तंत्रगिन्यानाच्या आदाराचेर घेवपाचे आसात. अशे परिस्थितींत विद्यार्थ्यांनी आपल्या गिन्यानाचो उपयोग समाजाचे आणि देशाचे उदरगती खातीर करचो असो उलो भारताच्या अणुऊर्जा आयोगाचे आदले अध्यक्ष डॉ. अनिल काकोडकर हाणी मारलो.

आयज कुंकळ्ळींत एनआयटी गोंयच्या दीक्षांत सुवाळ्यांत ते उलयताले.

तांणी गांवगिऱ्या आनी शारां मदलो साधनसंपत्तीचो फरक उणो करपाची गरज उक्तायली. ही अंतर उणी करपाची आसल्यार गांवगिऱ्या वाठारांतल्या विद्यार्थ्यांकय शारांतल्या विद्यार्थ्यांक मेळपी सुविधा मेळपाची गरज आसा. तशें जालें जाल्यार देशाची अर्थवेवस्था

नक्कीच बळिश्ट जातली. सगळ्यांक समान संद दिवन सगळ्यांचे समान उदरगतीकय आदार जातलो अशें मत तांणी उक्तायलें.

रश्मी ३५०

तुमची मानसिकताय हीच तुमची खरी शक्त . ताका लागुन आपणाक किते करपाचे आसा ते निश्चित केले उपरांत त्या दिखेन काम कराता, तूमच्या मानसिकतायचेंर विस्वास दवरात अशे मत  कॅप्टन शुभांशु शुक्ला हांणी उक्तायला.. ते नॅशनल बुक ट्रस्ट  ऑफ इंडीया वतीन आयोजित  गोंय पुस्तक  महोत्सवात WHEN DREAMS DEFY GRAVITY ह्या  विशयाचेरं  उलयताले. गट कॅप्टन शुबंशु शुक्ल हे  भारतीय वायुसेनेचो पायलट, भारतीय मनीस अंतरिक्ष उड्डाण कार्यावळीचो एक भाग म्हूण Axiom 4. मोहिमेवार्वी अंतरिक्षांत वचपी तो पयलो भारतीय अंतरिक्षयात्री. अंतराळात  वचपाची उमळशीक  तर आसलीच. मात अंतराळात  आपणाक  जी मानसिक शांतिकाय मेळ्ळी ती अभुतपुर्व आशिलली अशए कॅप्टन शुभांशु शुक्ला हांणी म्हणला.

60

मजगती नॅशनल बुक ट्रस्टावतीन पणजे कांपाल दयानंद बांदोडकर  मैदानाचेंर आयोजित गोंय पुस्तक  प्रदर्शन महोत्सवाक  उपाट प्रतिसाद  मेळटा. काल सुरु जाल्लया ह्या महोत्सवाक पुसतक मोगी सयत, विचारवंत, साहित्यिक, नाट्य, सिनेमा मळावेले मानेस्त, तशेंच  शाळा , म्हाविद्यालयाच्या विद्यार्थ्याकडल्यान उपाट प्रतिसाद मेळटा. 10 राज्यातल्या प्रकाशकांची सुमार 200 दालना ह्या प्रदर्शनात आसात.  हे  प्रदर्शन 8 फेब्रुवारी मेरेन चलतले.  जाणुन घेवया ह्या पुस्तक  प्रदर्शना विशी गोंयच्या नागरीकांची मता.

**हवामान 45**

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान ३५.4 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २२.५ औंश  सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३३.६ औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २१.४  औंश  सेल्सिअस नोंद जाला तशेच फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें आसतले.

खेळ

गोय पुलिस खेळ करंड फुटबॉल सर्तीत गार्डियन एन्जेल स्पोर्ट्स क्लबान क्लब द साळगावकार पंगडाचेर पेनल्टी शुटआवटात ५ आड ४ अशे जैत जोडले.

परतून एक फावट काय  मुखेल खबरो

फोंडा मतदारसंघांतले जायते प्रलंबीत उदरगत प्रकल्प नेटान पुराय करपाचो सरकार यत्न करता अशें मुख्यमंत्रांनी सांगलें.

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी परीक्षा पे चर्चा हो एक प्रेरणादायक आनी अंतर्दृष्टी आशिल्लो संवाद आशिल्लो अशें म्हणला .

विद्यार्थ्यांनी आपलें गिन्यान समाज आनी देशाच्या बरया खातीर वापरचें अशे अनिल काकोडकार हाणी एनआयटीच्या दीक्षांत सुवाळ्यांत सांगले

तुमची मानसिकताय हीच तुमची खरी शक्त. तुमच्या मानसिकतायचेर  विस्वास दवरात अशे मत  कॅप्टन शुभांशु शुक्ला हांणी उक्यातला

नॅशनल बुक  ट्रस्टावतीन पणजे कांपाल दयानंद बांदोडकर  मैदानाचेंर आयोजित  गोंय प्रदर्शन महोत्सवाक  उपाट प्रतिसाद  मेळटा.

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या फुडले खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार